# <u>शाळांच्या भुरग्यांखातीर गिमाळी उत्सव</u>

ता. 3 एप्रिल 2017
13 चैत्र 1938

कला आनी संस्कृती खात्यान शाळांच्या भुरग्यांखातीर ता. 17 ते 22 एप्रिल 2017 मेरेन सांस्कृतीक भवन, पाटो-पणजी हांगा स दिसाच्या गिमाळी उत्सवाचे आयोजन केला. सांजेच्या सत्रात 2.30 ते 5.30 वरांमेरेन उत्सव आयोजित करतले. गोंयच्या शाळांतली 8 ते 16 वर्सा पिरायेची भुरगी हया उत्सवात सहभागी जांवक शकतली.

उत्सवात सहभागी जावपी भुरग्यांक पेपर मॅशी, ज्युट क्राफ्ट, शॅल क्राफ्ट आनी प्रिंट मेकिंग कला शिकयतले. प्रत्येक कार्यशाळेत चडात चड 50 भुरग्यांक प्रवेश दितले.

इत्सुक भुरग्यांनी ता. 6 ते 10 एप्रिल 2017 मेरेन कला आनी संस्कृती खात्यातल्यान अर्ज मेळोवचे आनी ते भरून 12 एप्रिल मेरेन खात्याच्या कार्यालयात सुपूर्द करचे.